# राज्यपालान दिल्लींत प्रधानमंत्र्यांची भेट घेतली

ता. 13 डिसेंबर 2019

गोंयचे राज्यपाल सत्यपाल मलीक हांणी काल आपल्या दिल्ली भेटीत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेवन म्हादय प्रस्नाचेर आनी खास करून केंद्रीय पर्यावरण, राना आनी हवामान बदल मंत्रालयान कर्नाटकाक कळसा-भंडुरा उदका प्रकल्पा खातीर दिल्ल्या पर्यावरण मान्यतायेविशीं चर्चा केली. म्हादय न्हंय गोंयच्या लोकांखातीर जीवनदायीनी आसून म्हादयचे उदक गोंय राज्याखातीर कितले म्हत्वाचे आसा हे राज्यपालान प्रधानमंत्र्याक पटोवन दिले. प्रधानमंत्र्यान म्हादय उदकाचो प्रस्न रोखडोच सोडोवपाचे राज्यपालाक उतर दिले.

ह्या भेटीक अनुसरून केंद्रीय पर्यावरण, राना आनी हवामान बदल मंत्री श्री. प्रकाश जावडेकर हांणी राज्यपालाक फोन करून म्हादय प्रस्नाचेर एक वा दोन दिसांनी सकारात्मक उपाय काडटले म्हणपाचे सांगले.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2019/860